**राजभवनार फाल्या वनमहोत्सव कार्यावळ**

ता. 26 जुलय 2021

राजभवनार फाल्या ता. 27 जुलय 2021 वनमहोत्सव कार्यावळ आयोजीत केल्या. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी तांची घरकांन्न एड. श्रीमती रिता श्रीधरन राजभवनच्या आवारांत वृक्षारोपण करतली. तशेंच राजभवन कर्मचाऱ्यांक झाडांची रोपा वाटपात येतली.

ही कार्यावळ रानां खात्यान राजभवन बागायती विभागाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्या. तौकते वादळाक लागून राजभवन वाठारांत अनेक झाडां मोडल्यात आनी उमटून पडल्यात. ह्या झाडांचे लुकसाण भरून काडपाखातीर चालू पावसाळी मोसमात राजभवन वाठारांत 500 फळझाडां आनी वखदीं रोपांची लागवड करपात येतली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/618

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji